Aakashvani Panaji Regional news

7.25 am 11th November 2025

रश्मी 70

भोशीक कागाळ संचालनालाच्या स्थलांतरीत जाल्ल्या कार्यालयाचे, नव्या वेबसायटीचे आनी ॲपाचे आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी उक्तावण जाले. नव्या तंत्रगिन्यानाचो उपेग करून बरे प्रशासन तशेंच सरकारी येवजण्यांचो लाव सर्वसामान्यांक मेळोवन दिवपाखातीर ही वेबसायट तशेंच ॲप महत्वाचे थारतले अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी ह्यावेळार उलयताना म्हळें. पारदर्शक प्रशासनाखातीर तंत्रगिन्यानाचो उपेग ही काळाची गरज आशील्याचे मत ताणी ह्यावेळार उक्तायले. ह्यावेळार संचालक प्रसाद वळवयकार तशेंच हेर कर्मचारी हाजीर आशील्ले.

रश्मी 60

भारताच्या 56व्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव म्हळयार iffi'चे उक्तावण पोरन्या सचिवालय ते कला अकादेमीमेरेन भव्य परेड कडून मनयतले, फिल्म निर्मितीचो प्रचार करपी तशेंच production houseवतीन चित्ररथ ह्या उत्सवाचो भाग आसतले. सुमार 26 floats उक्तावण सुवाळ्याच्या परेडीत आसतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या. अंदु जीएमसी इमारतीचें रुपांतर इफ्फी उक्तावण स्थळांत केला. iffi चो समारोप सुवाळो श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडियमाचेर जातलो. float parade सर्वसामांन्यांखातीर उक्ती आसतली अशेय मुखेलमंत्र्यानी कळीत केला

Ganesh 80

खयच्याय कार्यालयातल्यान नोंदणी आतां जमीन खरेदी वा लग्नाची नोंदणी राज्यांतल्या खंयच्याय रजिस्ट्रार कार्यालयांतलयान जातली. हाका लागून नोंदणी खातीर त्याच म्हालांतल्या रजिस्ट्रार कार्यालयांत वचपाची गरज पडची ना, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी स्पश्ट केलें.मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज म्हालांतल्या सगल्या रजिस्ट्रार तशेंच अधिकाऱ्यांची बसका घेतली. आयटी तशेंच साधनसुविधांच्यो समस्या सोडोवपाक बसका जाली. एनआयसी वांगडा समन्वयाच्यो ज्यो समस्या आशिल्ल्यो त्यो बेगीनूच सोडयतले. म्हापशें रजिस्ट्रार कार्यालयाचें नूतनीकरण जालां. रजिस्ट्रार कार्यालयाच्या सेवांमदी काय दिसांनी बरींच सुदारणा जातली, अशें मुखेलमंत्र्यांनी बसके उपरांत सांगलें. Byte

रश्मी 45

खेळ, पर्यटन, येरादारींत समावेशक मुळावी बांदावळ तयार करपाच्या राज्यान केल्ल्या यत्नांक मान्यताय दिवन गोंयाक स्वयम फांउंडेशनावतीन दीव्यांग व्यक्तींक सगळ्यांत सुलभ सुविधा दीवपी राज्य पुरस्कार दीला. हो पुरस्कार मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी हालीच पुरस्कार भेटवण सुवाळ्यात स्विकारलो. जाल्यार आयज मंत्री फळदेसाय हांणी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांचेकडेन हो पुरस्कार दीलो. Byte

DIP 100

ग्रामीण विकास खाते, भारत सरकारच्या ग्रामीण विकास मंत्रालयाच्या सहकार्याने १३ नोव्हेंबर २०२५ ह्या दिसा पणजे दीनदयाळ उपाध्याय ग्रामीण कौशल्य योजना २.० सुरू जातली. मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी सकाळी १०.३० वारांचेर ह्याचे उक्तावण जातलें. ह्या कार्यावळीक मंत्रिमंडळाचे वांगडी मंत्रालयाचे अधिकारी, गोयचे मुखेल सचिव, खातें मुखेली आनी विंगड विंगड सरकारी संस्थांचे प्रतिनिधी हाजिर रावतले.

NST

पणजेत सुरु अशील्या 2025 वर्साच्या फिडे बुध्दिबळ विश्वचषक टायब्रेकरांत ग्रॅण्डमास्टर कार्तिक वेंकटरमन हो खेळगडो ग्रॅण्डमास्टर बोगदान-डॅनियल डीक हाका हारोवन चवथे फेरयेंत पावलो.

Imd

आयज पणजे चडान चड तापमान 32 deg c तर ऊण्यात उणे तापमान 20 deg c इतके नोंद जालां